24.06.2026 @ 7.20 pm Yogish

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी योगीश जोशी तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

नागरिकांक कल्याणकारी सेवा पावोवपाच्या सरकाराच्या चालू यत्नांतल्यान ‘जन कल्याण शिबीर’ ‘स्वयंपूर्ण गोंय’ कार्यावळी खाला फाल्या रवींद्र भवन, सांखळी हांगा या शिबिराचे आयोजन केला.

धारबांदोडा तालुक्यांत फाटल्या कांय म्हयन्यांत जाल्ल्या बुडपाच्या दुर्दैवी घडणुकांचेर कडक उपाययोजना करपा खातीर आज कुशावती जिल्ह्याच्यो जिल्हाधिकारी एगना क्लिटस हांच्या येजमानकेखाला एक म्हत्वाची बसका जाली.

गोंय पर्यटन खात्यान सुधारित शॅक धोरणांतर्गत 1 जुलय ते 30 सप्टेंबर 2026 या कालावधी खातीर पात्र खासगी शॅक ऑपरेटर, उपहारगृह आनी हॉटेल मालकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी ल्हान उद्देग उदरगत म्हामंडळान गोंयच्या मूर्ती कलाकारांकडल्यान 2026 वर्सा खातीर गणपतीची मूर्ती येवजणे खाला अर्थीक मजती खातीर अर्ज मागयल्यात.

आयज पुराय गोयात सां ज्यूआवची परब व्हडा उर्बे उमेदीन मनयली.

आता पुराय खबरो

Dip - जन कल्याण शिबीर 180

नागरिकांक कल्याणकारी सेवा पावोवपाच्या सरकाराच्या चालू यत्नांतल्यान 'जन कल्याण शिबीर' 'स्वयंपूर्ण गोंय' कार्यावळी खाला आयोजीत केला. 25 जून 2026 दिसा, सकाळीं 10 ते सांजे 5 मेरेन रवींद्र भवन, सांखळी हांगा या शिबिराचे आयोजन जातले. नागरिकांक वेगवेगळ्यो सरकारी कल्याणकारी येवजण्यो आनी सेवां संबंदी म्हायती आनी मदत दिवप, जाका लागून तांचे कडेन सोंपेंपणान मेळप सोंपें जावपाचो हेतू ह्या उपक्रमांत आसा. नागरिकांकडेन थेट संवाद सादप आनी कल्याणकारी सेवा दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्या. ह्या शिबिरांत 'म्हजे घर येवजण' आनी 'किसान क्रेडीट कार्ड' उपक्रमाक समर्पीत काउंटर आसतले. हाकालागून नागरिकांक बेगोबेग मार्गदर्शन आनी म्हायतीचो लाव घेवंक शक्य जातले, तशेंच ह्या काउंटरां वयल्यान तांचे प्रस्न सोडोवंक मेळटले. ह्या कार्यक्रमाची एक खाशेली गजाल म्हळ्यार 'वंदे मातरम' च्या १५०व्या वर्साच्या उत्सवा खातीर उक्तावण सत्रांत डॉक्युमेंटरी दाखयतले. ते भायर ह्या अधिवेशनांत फाटल्या 12 वर्सांत भारत सरकारान केल्ल्या कामगिरीचें प्रदर्शन करपी डॉक्युमेंटरी आनी हेर कार्यावली जातल्यो, तशेंच 12 नामनेच्या व्यक्तींचो सन्मान करतले. 'स्वयंपूर्ण गोंय' कार्यावळीच्या उद्दिश्टां कडेन जुळोवन, हो 'जन कल्याण शिबीर' नागरिकांक सरकारी येवजण्यो आनी उपक्रमां संबंदी म्हायती आनी मजत मेळोवपाक एक समर्पीत मंच आसा. कल्याणकारी उपायांचे फायदे राज्यभरांतल्या नागरिकां मेरेन प्रभावीपणान पावचे हे खातीर सरकाराचे खर यत्न हे कार्यावळींतल्यान दिसून येता.

सुशांत - धारबांदोडा - 220

धारबांदोडा तालुक्यांत फाटल्या कांय म्हयन्यांत जाल्ल्या बुडपाच्या दुर्दैवी घडणुकांचेर कडक उपाययोजना करपा खातीर आज कुशावती जिल्हयाच्यो जिल्हाधिकारी एगना क्लिटस हांच्या येजमानकेखाला एक म्हत्वाची बसका जाली. या बसकेक कुशावतीचे

पोलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा आनी अतिरिक्त जिल्हाधिकारी रमेश गांवकर हांची खाशेली उपस्थिती आशिल्ली. या बसकेक धारबांदोडा तालुक्याचे उपजिल्हाधिकारी, मामलेदार, बीडीओ हांचे सयत वेगवेगळ्या गांवच्या पंचायतींचे सचीव आनी सरपंच हाजीर आशिल्ले. बसकेत फाटल्या आठ म्हयन्यांत जाल्ल्या बुडपाच्या प्रकरणांचो सविस्तर अहवाल सादर केलो. फाटल्या आठ म्हयन्यांत तालुक्यांत बुडपाच्यो ८ घडणुको जाल्यात, जातूंत मुखेल करून विद्यार्थी आनी भोंवडेकारांक आपलो जीव वगडावचो पडला. प्रशासनान तालुक्यांत १७ अती-धोक्याचे सुवातो सोदुन काडल्यात. न्हंयच्या प्रवाहाची पुराय माहिती नसप, सोरो पिवन न्हंयत देवप, पयसच्या आनी एकांतांतल्या सुवातांनी पिकनिक करप, आनी धोक्याच्या सुवातांनी पेंवप हीं या अपघातांचीं मुखेल कारणां देखून मुखार आयल्यात. हो धोको पळोवन प्रशासनान आत्तां मेरेन धोक्याचे सुवातो जाहीर करपी फलक लायल्यात, पोलिसांची गस्त वाडयलां आनी वेगवेगळ्या खात्यां मदीं समन्वय सादला. मुखार सुरक्षे खातीर जागृताय मोहीम राबवप, शिटकावणी दिवपी फलक लावप, सुटके खातीर सुरक्षित सुवातो थारावप आनी थळाव्या लोकांक शिटूक करप अशे उपाय आंखल्यात अशे सांगले. जिल्हाधिकारी एगना क्लिटस हांणी शिक्षणाधिकारी आनी पोलिसांच्या आदारान शाळांनी जागृताय मोहीम राबवपाचे आदेश दिल्यांत. तेच बरोबर, उदकांत उतरपाच्या धोक्यां विशीं लोकांक शिटूक करपाक बीडीओ आनी पंचायत प्रतिनिधींनी 'खाशेली ग्रामसभा' घेवपाची शक्यताय तपासून पळोवची, अशें सांगलें. दक्षिण गोंय आणि कुशावती जिल्ह्यातल्या कोयरा व्यवस्थापनाचो नियाळ घेवपाखातीरय जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस हाणी वेगळी बसका घेतली.

रश्मी - गोंय पर्यटन 110

गोंय पर्यटन खात्यान सुधारित शॅक धोरणांतर्गत 1 जुलय ते 30 सप्टेंबर 2026 या कालावधी खातीर दर्यादेगेंचेर डेक बेड, छत्री, टेबल आनी खुर्च्यो घेवपाक पात्र खासगी शॅक ऑपरेटर, उपहारगृह आनी हॉटेल मालकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज 22 जून ते 3 जुलय मेरेन मडगांव आनी पणजी हांगच्या प्रादेशिक सुविधा केंद्रांचेर सादर

करपात मेळटले, तशेंच पर्यटन खात्याच्या संकेतस्थळावेल्यानुय अर्ज करु येता. परवानगी खातीर 56 हजार रुपया परवाना शुल्क म्हण भरचो पडटलो. तशेंच अर्जदारांक 10 हजार रुपया ही परत न मेळपी अर्ज फी आनी GEL कडेन भरपाची 11 हजार रुपया ही परत न मेळपी प्रक्रिया फी भरची पडटली. नव्या अर्जदारांक 50 हजार रुपया सुरक्षा ठेव म्हल्यार (सिक्युरिटी डिपॉझिट) अनिवार्य आसतले अशें पर्यटन खात्यान कळीत केला.

रश्मी - गोंय हस्तकला 80

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी ल्हान उद्देग उदरगत म्हामंडळान गोंयच्या मूर्ती कलाकारांकडल्यान 2026 वर्सा खातीर गणपतीची मूर्ती करप्यां खातीर येवजणे खाला अर्थीक मजतीखातीर अर्ज मागयल्यात. गोंयांत हे येवजणे खाला नोंदणीकृत कारागिरांक उण्यांत उणी एक फूट उंचायेचे दरेक मातयेच्या मूर्तीक ₹200 अनुदान मेळटलें, दरेक कारागिराक चडांत चड 250 मूर्तीक अनुदान मेळटले. पयलीं येवप्याक पयली या तत्वाचेर अनुदान दितले. अर्ज 24 जून ते 24 जुलय मेरेन दरेकीं 50 रुपया च्या मोलान पणजीच्या हस्तकला म्हामंडळाच्या मुखेल कार्यालयांत आनी मडगांवाच्या अपरांत एम्पोरियम हांगा मेळटले.

सुशांत - जीवोत्तम विद्यापीठम - 85

दक्षिण अयोध्या म्हणून सध्या वळखुपी पर्तगाळी काणकोण हांगाच्या श्री गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठात आजसावन जीवोत्तम विद्यापीठम ह्या नव्या वैदिक पाठशाळेक सुरवात जाली. गोकर्ण पर्तगाळ मठाधीश श्रीमद् विद्याधीष तीर्थ स्वामींच्या उपस्थितीत ही पाठशाळा आज सावन सुरू जाली. 5 वरसांच्या या अभ्यासक्रमात विद्यार्थ्यांक संस्कृत, वेद, करमांग आनी ज्योतिष, जाल्यार 10 वरसांच्या

अभ्यासक्रमात संस्कृत, वेद, करमांग, ज्योतिष, हाचे सयत न्याय आनी वेदान्त हाचें शिक्षण दितले. आज ह्या उक्तावण सुवळ्याक केंद्रीय मठ समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेम्पे हांच्या सयत मोहनदास पै, आर. एस. शानभाग, रामचंद्र पै आनी हेर मानेस्त हाजीर आसले.

<u>आकाशवाणी पणजी आता मुखावेल्यो खबरो</u>

रश्मी / सुशांत - सां ज्यूआवची परब 160

ख्रिस्ती धर्मीयांची आयज सांजावाची परब. हे परबच्या फांटभुयेर आयज तकलेक फुलांची कोपेला माळुन, तशेंच बांयत उडी मारून सांजावाची परब लोकांनी व्हडा उमेदीन मनयली. गोंयात बार्देश म्हालातलो शिवोलेचो सांजांव फामाद आसा. St. anthony church सामकार आशील्ल्या न्हंच्या फाट्यात पारंपारीक सांजाव संकल्पनेचेर आधारीत बोटीतल्या फ्लोटांची मिरवणुक जाली. ह्या वेळार सैम सांबाळात, गोंयांक पाचवेचार आनी नितळ दवरात असो संदेश ह्या boat parade न दिलो. तशेंच कातारांचेर सांजावात वाटो घेतील्ल्यांनी ठेको धरीत सांजाव मनयलो. पर्यटन खात्यान हेवेळार वेगवेगळ्या सर्तींचे तशेंच मनरीजवणीच्या कार्यावळीचें आयोजन केल्ले. शिवोलेच्या सांजावाक केंद्रीय पर्यटन राज्य मंत्री सुरेश गोपी हांणी मानाचे सोयरे म्हण हाजेरी लायील्ली. हे वेळार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, शिवोलेची आमदार डीलायला लोबो, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. मजगती सेंट जॉन द बाप्तिस्त हांच्या जल्म दिसाच्या उगडासाक मनोवपी सां ज्यूआवची परब आज दक्षिण गोयांतय व्हडा उर्बे उमेदीन मनयली. बाणावलीच्या सेंट जॉन द बाप्तिस्त इगर्जेत आज खासा मिस जाले. ह्या वेळार फा. एल्विस डायस

हाणी शेरमाव सांगले ह्या वेळार इगर्जेचे मुखेल पाद्री फा. झेवियर इस्तिबेरो आनी हेर मानेस्त हाजीर आसले.

रश्मी - कराटे प्रशिक्षण ५0

पणजी म्हापालिका तशेच भुरग्यांच्या समितीन स्कॅन ह्या संस्थेच्या जोडपालवान आनी इक्विनॉक्साच्या आदारान सी.सी.पी टाउन हॉलांत प्रोग्रेस हायस्कुलाच्या विद्यार्थ्यांखातीर safety first ही कराटे प्रशिक्षण दीवपी मोहीम घडोवन हाडली. स्वताचे राखणे विशी प्रशिक्षण, सुरक्षेची जागृताय सत्रां, आनी आत्मविस्वास निर्माण करप हो ह्या कार्यावळीचो मुखेल हेत आशिल्लो. तरणाटे सशक्तीकरणाचे महत्व दीत हे कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.

दिल्लीत आयोजित एका उच्च-स्तरीय बसकेत, 'ब्रिक्स' देशांच्या राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांनी आनी वरिष्ठ सुरक्षा अधिकाऱ्यांनी दहशतवाद आनी सायबर धोक्यांसयत जागतिक सुरक्षे मुखारच्या वाढत्या आव्हानांक फुड़ो करपाक अधिक घटट सहकार्याचे आवाहन केला. या बसकेत उलयताना राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हाणी अधिकाधिक डिजिटल जायत चलिल्या जगात निर्माण जावपी सुरक्षेचे धोके आणि दहशतवादाच्या बदलत्या स्वरूपांक फुड़ो करपाक ब्रिक्स देशांनी एकत्रितपणान विचार-विनिमय आनी सहकार्य करपाच्या गरजेर भर दिलो.

जागतिक स्तरावेल्या आव्हानात्मक परिस्थितीच्या फांटभुंयेर, समान मूल्यां आनी परस्पर विश्वास आशिल्या देशांनी अधिक म्हऱ्यानच्यान काम करपाची गरज आसा अशे सांगुन परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आज भारत आणि दक्षिण कोरिया--मदले संबंध अधिक घट करपाच्या महत्त्वार भर दिलो. Seoulत दक्षिण कोरियाचे

परराष्ट्र मंत्री 'चो ह्युन' हांचे वांगडा जाल्या बसकेच्या सुरुवातीक उलायताना ताणी भर दिला की, सध्याच्या आंतरराष्ट्रीय परिस्थितीत विश्वासू भागीदारांमदले सहकार्य आदी परस चड महत्त्वाचे थारला.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

नागरिकांक कल्याणकारी सेवा पावोवपाच्या सरकाराच्या चालू यत्नांतल्यान 'जन कल्याण शिबीर' 'स्वयंपूर्ण गोंय' कार्यावळी खाला फाल्या रवींद्र भवन, सांखळी हांगा या शिबिराचे आयोजन केला.

धारबांदोडा तालुक्यांत फाटल्या कांय म्हयन्यांत जाल्ल्या बुडपाच्या दुर्दैवी घडणुकांचेर कडक उपाययोजना करपा खातीर आज कुशावती जिल्ह्याच्यो जिल्हाधिकारी एगना क्लिटस हांच्या येजमानकेखाला एक म्हत्वाची बसका जाली.

गोंय पर्यटन खात्यान सुधारित शॅक धोरणांतर्गत 1 जुलय ते 30 सप्टेंबर 2026 या कालावधी खातीर पात्र खासगी शॅक ऑपरेटर, उपहारगृह आनी हॉटेल मालकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी ल्हान उद्देग उदरगत म्हामंडळान गोंयच्या मूर्ती कलाकारांकडल्यान 2026 वर्सा खातीर गणपतीची मूर्ती येवजणे खाला अर्थीक मजती खातीर अर्ज मागयल्यात.

आयज पुराय गोयात सां ज्यूआवची परब व्हडा उर्बे उमेदीन मनयली.

आनी इतल्यान ह्यो प्रदिशिक खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो प्रादेशिक खबरो आयकात फाल्या सकाळी ७ वरा २५ मिनटाचेर ......... नमस्कार